7th August 2025 सकाळी - 8.40

आकाशवाणी पणजी

मुखेल खबरो

- प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज नवी दिल्लींत जावपी, एम. एस. स्वामीनाथन शतवार्षिक आंतरराष्ट्रीय परिशदेचें उक्तावण करतले.
- अमेरिकेच्या अतिरिक्त शुल्क लादपा आड, भारतान परतून प्रतिसाद दितना, ही कृती अन्यायकारक, अयोग्य आनी अवास्तव आसा, अशें सांगलें.
- राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू आयज नवी दिल्लींत, जावपी 11व्या राष्ट्रीय हातमाग दीस कार्यावळीत वाटेकर जातल्यो.
- इबाडिल्ल्या हवामानाक लागून, उत्तराखंडांतल्या पिठोरा-गढ, धारचुला बेस कॅम्पांत, कैलाश-मानसरोवर यात्रेकरुंच्या चवथ्या पंगडाक थांबयला.
- भारताची अन्नू रानी हिणें, पोलंडांत आंतरराष्ट्रीय व्हिस्लाव मॅनियाक स्मारक ऍथलेटिकसात, बायलांच्या भालाफेक सर्तींत भांगरा पदक जिखलें.

पीएम स्वामिनाथन - 90

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज नवी दिल्लींत, ICAR पुसा हांगा जावपी एम. एस. स्वामीनाथन शतवार्षिक आंतरराष्ट्रीय परिशदेचें उक्तावण करतले. ह्या निमतान प्रधानमंत्री मोदी ह्या सभेक संबोधीत करतले. तशेंच अन्न आनी शांतताये खातीर पयलो एम. एस. स्वामीनाथन पुरस्कार लेगीत भेटयतले. ह्या परिशदेचो विशय आसा "Evergreen Revolution, The Pathway to Bio-happiness". जो प्राध्यापक एम एस स्वामीनाथन हांणी सगळ्यांखातीर जेवणाची खात्री करपा खातीर, आजीवन केल्ले समर्पण, प्रतिबिंबीत करता. एम. एस.स्वामीनाथन रिसर्च फावंडेशन आनी The World Academy of Sciences हांणी स्वामीनाथन हांच्या दायजाचो भोवमान करपा खातीर, हो पुरस्कार सुरू केला.

## इंडिया यूएस - 100

अमेरिकेच्या अतिरिक्त शुल्क लादपा आड, भारतान परतून प्रतिसाद दिला आनी ही कृती अन्यायकारक, अयोग्य आनी अवास्तव आसा, अशें सांगलें. अमेरिकेचे राष्ट्राध्यक्ष डोनाल्ड ट्रम्प हांणी, भारताचेर 25 टक्क्यांचो अतिरिक्त शुल्क लादल्या उपरांत, ही गजाल घडल्या. भारत आपल्या राश्ट्रीय हिताची राखण करपा खातीर, गरजेच्यो सगळ्यो कृती करतलो, अशें विदेश वेव्हार मंत्रालयान एका निवेदनांत म्हणलां.

अमेरिकेन हालींच, रशियेंतल्यान भारताची तेल आयात करपाचेर लक्ष्य केलां, अशें उजवाडाक हाडून एमईएन सांगलें की, ह्या प्रस्नांचेर नवी दिल्लीन, पयलींच आपली स्थिती स्पश्ट केल्या. तातूंत देशाची आयात हि बाजारपेठेच्या घटकांचेर आदारीत आसा आनी ती भारतांतल्या १ पूज्य ४ अब्ज लोकांखातीर, ऊर्जा सुरक्षीतताय सुनिश्चीत करपाच्या एकंदर उद्देशान केल्या.

## राष्ट्रपती मुर्मू - 60

राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू आयज नवी दिल्लींत, जावपी 11व्या राष्ट्रीय हातमाग दीस कार्यावळीत वाटेकर जातल्यो. कापड मंत्रालयान आयोजीत केल्ल्या ह्या कार्यावळीचो हेत, भारताच्या हातमाग क्षेत्राक आनी देशाचे ग्रामीण अर्थवेवस्थेक तशेच सांस्कृतीक अस्मितायेखातीर दिल्ल्या योगदानाचो भोवमान करप, हो आसा. देशभरांतले सुमार 650 विणकार, परकी खरेदीदार, नामनेचे व्यक्ती, निर्यातदार, आनी वरिश्ठ सरकारी अधिकारी ह्या कार्यावळीक हाजीर आसतले.

## कैलाश मानसरोवर - 30

उत्तराखंडांतल्या पिठोरा-गढ जिल्ह्यांतल्या, धारचुला बेस कॅम्पांत, कैलाश-मानसरोवर यात्रेकरुंच्या चवथ्या पंगडाक थांबयला. चड उंचायेचेर वचपी रस्त्यार, वायट हवामानाक लागून जड फातरांनी धपको दिल्ल्यान, अधिकाऱ्यांनी तांकां मुखार वचपाक दि नसताना, थंयच रावपाक सांगला.

उत्तराखंड - 150

उत्तराखंडांतल्या धराली वाठारांत काल आयिल्या हुवारा उपरांत मदत आनी बचाव कार्य झुजा पांवड्यार चालू आसात. मुख्यमंत्री पुष्कर सिंग धामी उत्तरकाशींत हाजीर आसात, ते परिस्थितीचेर वैयक्तीक नदर दवरून आसात. भारतीय सैन्य, एनडीआरएफ, एसडीआरएफ, जिल्लो प्रशासन सक्रीयपणान वावुरतात. आतां मेरेन 130 परस चड लोकांक सुरक्षीत सुवातेर स्थलांतरीत केल्यात. सोडवणूक कार्यावळींत युसीएडीए हेलिकॉप्टरांची म्हत्वाची भुमिका आसा. हवामान एक्दम वायट आसून लेगीत हेलिकॉप्टरान सात उड्डाणा केल्यात. ह्या विध्वंसक संकश्टांत आतां मेरेन पांच जाणांक मरण आयलां, आनी 50 वयर लोक बेपत्ता जाल्ल्याची म्हायती मेळ्ळ्या. बेपत्ता जाल्ल्या लोकां मदीं लश्कराचे इकरा जवानूय आसात. रस्त्यांच्या जोडणीच्या प्रस्नांक लागून बचाव पंगडाच्या हालचालींचेर आडमेळीं आयल्यात, पूण मार्ग परतून उक्ते करपाचे यत्न चालू आसात. दरेका बाधित मनशाक मजत पावोवप आनी सामान्य स्थिती परतून हाडप हें आपलें सगळ्यांत चड प्राधान्य आसा अशें राज्य सरकारान सांगलां. मजगतीं, हालींच जाल्ल्या पावसाक लागून उत्तराखंडांतल्या हेर वाठारांनीय लोकजीण विस्कळीत जाल्या. मजगती प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी उत्तराखंडाच्या मुख्यमंत्री पुष्कर सिंग धामी वांगडा उलोवून मजत आनी बचाव कार्यावळी विशीं नियाळ घेतलो.

(Byte – Dhami)

**BREAK**

संसद - ९०

काल संसदेत विरोधकांनी वेगवेगळ्या विशयांचेर केल्ल्या बोवाळाक लागून, संसदेच्या दोनूय सभाघरांचे कामकाज पयली दनपारां 2:00 मेरेन उपरांत, दिसभराखातीर स्थगीत केले. केंद्रीय जहाज येरादारी आनी उदका मार्ग मंत्री सर्वानंद सोनोवाल हांणी, दर्या येरादारी विधेयक, 2025 लोकसभेंत मांडलें. हाचे आदीं सकाळीं 11 वरांचेर लोकसभेची कार्यवाही सुरू जाली, तेन्ना सभापती ओम

बिर्ला हाणी, हिरोशिमा दिसा निमतान 1945वर्सा, जपानांत जाल्या अणुबॉंब हल्ल्यांत मरण आयिल्ल्यांक आर्गां ओपली.

(Byte – OM Birla on Peace)

TRAI -

भारतीय दूरसंचार नियामक प्राधिकरणान, आपल्या नांवाचो गैरवापर करपी सायबर फटवणूक आनी अर्थीक घोटाळ्यांचे प्रकार वाडिल्ल्यान, लोकांक सादूर रावपाची शिटकावणी दिल्या. ट्रायच्या म्हणण्या प्रमाण, घोटाळेकार हे प्राधिकरण वा कायद्याची गजाल करून, व्यक्तींचेर दूरसंचार वा अर्थीक उल्लंघनाचो खोटो आरोप करतात. तातूंतलें एक म्हत्वाचें उदाहरण म्हणल्यार, “digital arrest”. जंय बळी पडपी लोकांक, गुन्यांवकारी कार्यावळींनी वांटो घेतात आनी तांचेर बेगोबेग कारवाय जावपाचो धोको आसा, असो धमकावपी कॉल येता.

President Philipinnes - 45

भारत-फिलिपीन्स भागीदारी फकत दोनूय देशांतल्या लोकांक फायद्याची न्हय, तर ह्या वाठारांत शांतताय, स्थिरताय आनी समृध्दी खातीर महत्वाची आसा, अशें राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हांणी सांगलां. भारत-फिलिपीन्स द्विपक्षीय संबंदविशी राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हांणी मुखार सांगले, कि

(Byte – WD Murmu Culture & Trade )

BIHAR HANDLOOM DAY - 90

बिहारांत कपडो आनी हातमाग क्षेत्रांत व्हड प्रमाणांत लोकांक रोजगार मेळपाक लागला. बिहार भागलपुरी रेशम, खादी आनी बावनबूटी, मधुबनी हस्तकला अशा उत्कृश्ट उत्पादनांक कापड क्षेत्रांत लोकप्रियता मेळ्ळ्या आनी राज्यांतलो हातमागाचो उद्देग व्हड प्रमाणांत पातळिल्ल्यान ताणे बाजारांत आपली सुवात

मेळयल्या. खादी ब्रँडा खाला विणकार वेगवेगळीं उत्पादनां परवडपी दरांत पुराय करतात. हातमाग आनी कापड क्षेत्रांत काम करपी ह्या गरीब विणकारांक आनी कारागिरांक तांच्या उत्पादनांक बरे मोल मेळची म्हूण एक यंत्रणा तयार करची पडटली अशे राष्ट्रीय हातमाग दिसा निमतान आकाशवाणी खबराकडेन उलयतना नॅशनल इन्स्टिट्यूट ऑफ फॅशन टेक्नॉलॉजी (निफ्ट, पाटना)चे संचालक कर्नल राहुल शर्मा हांणी सांगलें.

एथलेटिक्स - 30

एथलेटिक्सांत, भारताची अन्नू रानी हिणें पोलंडांतल्या आंतरराष्ट्रीय व्हिस्लाव मॅनियाक Memorialलात, बायलांच्या javelin throw सर्तींत हंगामांतलो सगळ्यांत बरो यत्न करून 62 पूज्य 59 मीटर भालो उडोवन, भांगरा पदक मेळयलां.

The World Games - 120

आयज सुरू जावपी आनी चीनांतल्या चेंगडू शारांत 17 ऑगस्ट मेरेन चलपी, संवसारीक खेळ 2025 सात 18 वांगड्याचो भारतीय पंगड, वांटो घेवपाचो आसा. १९८१ सावन दर चार वर्सांनी जावपी संवसारीक खेळांत, ऑलिंपिकात आस्पाव नाशिल्ले खेळ दाखयतात. अंदूच्या आवृत्तींत 34 खेळ आनी 60 विशयांतले, 253 पदक सर्तींचो आस्पाव जातलो. १९८१ वर्साच्या उक्तावण आवृत्ती उपरांत, भारतान संवसारीक खेळां सर्तींत वांटो घेतला आनी आयज मेरेन ताणें एक भांगरा पदकां, एक रुप्या पदकां आनी तीन कांस्य पदकां सयत वट्ट पांच पदकां मेळयल्यात. देशांतलें एकमेव भांगरा पदक 2013 वर्सा आयलें, जेन्ना आदित्य मेहतान बिलियर्ड्सांत, जैत मेळयलें. हे खेपे भारत Archery, Billiards, Roller Skating, Wushu, आनी Racquetball, अशे पांच खेळांत वांटो घेतलो. अंदु ह्या खेळां सर्तींच्या बाराव्या आवृत्तींत, ह्या पंगडाचो हेत पदकांची संख्या सुदारपाचो आसतलो.

फुटबॉल -

फुटबॉलांत काल म्यानमारांतल्या यांगोन शारांतल्या, थुवुन्ना स्टेडियमांत जाल्ल्या, AFC अंडर-20 बायलां आशियाई कप 2026 पात्रताय सर्तीच्या, सुरवातीच्या गट डी मॅचींत, भारताच्या 20 वरसा खाला, बायलां पंगडान इंडोनेशिया आड गोल करी नासतना, बरोबरी केली. ह्या निकालाक लागून भारताक एक गूण मेळो, जाल्यार गट फुडारी म्यानमारान दिसाचे सुरवेक, तुर्कमेनिस्तानाचेर 6 आड1 अशे जैत मेळयले उपरांत, तांका तीन गूण मेळयात.

**IMD – WEATHER 110**

भारतीय हवामान खात्यान आयज उत्तराखंड आनी उत्तर प्रदेशात व्हड ते घोग्यानी पावस पडपाचो अदमास उक्तायला. उत्तराखंड आनी हिमाचल प्रदेशाचेर ह्या म्हयन्याचे 12 तारकेमेरेन व्हड प्रमाणांत पावस पडपाची शक्यताय आसा. कर्नाटक, बिहार आनी झारखंडात उटंगाराचो पावस पडपाची शक्यताय आसा. फुडल्या 7 दिसांत उत्तर उदेंत आनी लागसारच्या उदेंत भारताचेर व्हड प्रमाणांत पावस पडपाची शक्यताय हवामान खात्यान उक्तायल्या. मजगतीं, फाल्यां अरुणाचल प्रदेशात कांय वाठारानी घोग्यानी पावस पडटलो म्हण रेड अलर्ट जारी केला.

शेनवारा मेरेन तमिळनाडू, केरळ, माहे, दर्यादेगेवेल्या आंध्र प्रदेश, तेलंगणा आनी रायलासीमाचेर कांय सुवातानी व्हड प्रमाणांत पावस पडपाची शक्यताय आसा अशे हवामान खात्यान फुडें सांगलां. ह्या म्हयन्याच्या 11 तारखे मेरेन केरळ, कर्नाटक आनी लक्षद्वीप, महाराष्ट्र आनी गोंय दर्यादेगेवेल्या अरबी दर्यांत वचप टाळपाचो सल्लो नुस्तेकारांक दिला.

आता खबरो सोपोवच्या आदी, परतून एक फावट आयच्यो मुखेल खबरो

- प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज नवी दिल्लींत जावपी, एम. एस. स्वामीनाथन शतवार्षिक आंतरराष्ट्रीय परिशदेचें उक्तावण करतले.

- अमेरिकेच्या अतिरिक्त शुल्क लादपा आड, भारतान परतून प्रतिसाद दितना, ही कृती अन्यायकारक, अयोग्य आनी अवास्तव आसा, अशें सांगलें.

- राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू आयज नवी दिल्लींत, जावपी 11व्या राष्ट्रीय हातमाग दीस कार्यावळीत वाटेकर जातल्यो.

- इबाडिल्ल्या हवामानाक लागून, उत्तराखंडांतल्या पिठोरा-गढ, धारचुला बेस कॅम्पांत, कैलाश-मानसरोवर यात्रेकरुंच्या चवथ्या पंगडाक थांबयला.

- भारताची अन्नू रानी हिणें, पोलंडांत आंतरराष्ट्रीय व्हिस्लाव मॅनियाक स्मारक ऍथलेटिकसात, बायलांच्या भालाफेक सर्तींत भांगरा पदक जिखले.

इतल्यान ह्यो राष्ट्रीय खबरो सोपल्यो, आकाशवाणी पणजीच्या खबर विभागाचे, मुखावेले राष्ट्रीय खबरापत्र तुमका आयकूंक मेळटलें, आयज सांजे साडे स वरांचेर.   नमस्कार